आकाशवाणी पणजी

प्रादेशिक खबरा

मुखेल खबरो :-

1 शेतकी,तशेच हेर मळार गोंय समृद्ध जातले असो विस्वास मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी व्यक्त केला

2 गोंयात प्रधानमंत्री आवास येवजणेचो लाव चडान चड गरजू नागरीकांमेरन पावचो म्हण सरकार ह्या येवजणेचे परीक्षण करतले तशेंच गरजु लावार्थ्यांचे पुर्नसर्वेक्षण करतले

3 जेना आपले गाव समृद्ध जातात तेना भारत समृद्ध जाता. अशे केंद्रीय ग्रामीण विकास आणि दळणवळण राज्यमंत्री पेम्मासनी चंद्रशेखर हाणी म्हणला

4 गोंयचे राज्यपाल पी.एस श्रीधरन पिलय आनी मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी ईद-उलझुहाच्या निमतान गोंयच्या लोकांक, परबीं दिल्या

रश्मि 130

गोंय शेतकी पिकावळ,भाजयो, फळा, दुद, नुस्ते हे बाबतीन आता स्वयंपुर्ण जावपाच्या वाटेर आसा.पयली ह्यो वस्तु शेजारच्या राज्यातल्यान मागोवच्यो पडटाल्यो,मात आता 50% संबंधीत वस्तुची पिकावळ आनी निर्मीती गोंयात जाता,ताका लागुन गोंय आता ह्या वस्तुंच्या बाबतीन स्वयंपुर्ण जावपाच्या वाटेर आसा अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. गोंय ग्रामीण उदरगत यंत्रणेच्या मजतीन गोयांतली बायला आप मजत गटा वरवी आता बरीच सक्षम जाल्यात,कांय दीसाभितर गोंयासांवन 11 हजार लखपती दीदी तयार करपाची मोख गोंय सरकारान दवरला.तशेच 10 drone दीदी करपाची मोखुय सरकारान दवरला.हाका लागुन शेतकी,तशेच हेर मळार गोंय समृद्ध जातले असो विस्वास मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी व्यक्त केला.

गोंयात वेगवेगळ्या मळार लागपी मनीसबळ प्रशिक्षण दीवन तयार करपाक सरकार भर दीला.मनीसबळाच्या बाबतीन लेगीत गोंय कांय दीसानी स्वयंपुर्ण जातले असो विस्वास मुखेलमंत्र्यान व्यक्त केला. तशेंच गोयाक नितळ दवरून सैम सामाळुन शाश्वत उदरगत करपाक सरकार महत्व दीता अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा.

रश्मि 130

गोंयात प्रधानमंत्री आवास येवजणेचो लाव चडान चड गरजू नागरीकांमेरन पावचो म्हण सरकार ह्या येवजणेचे परीक्षण करतले तशेंच गरजु लावार्थ्यांचे पुर्नसर्वेक्षण करतले.गोयात आशील्ल्या खास करून अनुसुचीत जाती,अनुसुचीत जमाती,OBC,तशेंच अर्थिक रीत्या दुर्बळ आशील्ल्या घरांक पक्के घर बांधुन

दीवपाच्या सपनाक सरकार ह्या येवजणेवरवी नीश्चीतुच पुराय करतले अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या. गोंयात ह्या येवजणेवरवी 250 गजणांनी अर्ज केल्ले ,हांतुल्ल्या 240 जणांक ह्या येवजणेवरवी पक्के घर मेळ्ळा अशी म्हायती ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान दील्या. गोंयात चड काळ राबीतो करपी बिगर गोंयकारांक लेगीत ह्या येवजणेचो लाव मेळचो म्हण सरकार यत्न करतले अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा. प्रधानमंत्री आवास येवजणेवरवी आयज आनी फाल्या अशे दोन दीस ग्राणीण उदरगत ह्या वीशयाचेर पणजे मेरीयट होटेलात खासा शीबीराचे आयोजन केला. ह्या शीबीरात देशभरातल्या वेगवगळी राज्या आनी केंद्र शासीत प्रदेशाच्या सरकिरी अधिकाऱ्यांनी आनी संबंधीत खात्याकडे जोडील्ल्या जाळवणदारांनी तशेच धोरणा आखपी मानेस्तांनी वाटो घेतला.

महेश DIP 200

केंद्रीय ग्रामीण विकास आणि दळणवळण राज्यमंत्री पेम्मासनी चंद्रशेखर हाणी म्हनला की, ग्रामीण समुदायांक सक्षम केल्याशिवाय विकसित भारत शक्य ना. आज गोयात मिरामार हांगा प्रधानमंत्री आवास योजना - ग्रामीण अंतर्गत प्रादेशिक ग्रामीण कार्यशाळेत उलयताना मंत्र्यान म्हणले की जेनना आपले गाव समृद्ध जातात तेना भारत समृद्ध जाता. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीच्या परिवर्तनकारी दृष्टिकोनातल्यान , प्रधानमंत्री आवास योजना अंत्योदयाच्या खऱ्या भावनेक मूर्त रूप दिता आनी निमण्या व्यक्तीक लेगित उभारी दिता अशे ताणी म्हणले – byte

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे विकसित भारत 2047 चे स्वप्न पुराय करपाखातीर गोंय सरकार काम करता. त्याच धर्तेर आमी विकसित गोंय 2037 चे नियोजन केल्ले आसा, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज गोंय सरकारच्या ग्रामीण विकास खात्यान प्रधानमंत्री आवास येवजणे खाला आयोजीत प्रादेशीक ग्रामीण कार्यशाळेत उलयतना सांगलें. राज्य सरकारची स्वतःची अटल आसरा येवजण आसा, जीचो उद्देश प्रत्येक नागरिकाक स्वताचे घर उपलब्ध करून दीवप आसा. केंद्र सरकारन सगळ्यां खातीर भलायकी, सगळ्यां खातीर घरां, सगळ्यां खातीर उदक आनी लोकांच्या हिता खातीर हेर साबार उपक्रम सुरू केल्यात. राज्य सरकारन हातूंतले 80 टक्के कार्यक्रम पुराय केल्ले आसात. ग्रामीण विकास मंत्री गोविंद गावडे हांणी कार्यशाळेचो उद्देश सांगतना, प्रधानमंत्री आवास येवजणेच्या अंमलबजावणीत येवपी अडचणी ह्या ग्रामीण कार्यशाळ वरवीं सुटाव्यो जावपाक मजत जातली अशें सांगून केंद्र सरकारांची सगळ्यां खातीर घरां ही एक म्हत्वाची येवजण आशिल्ल्याचें सांगलें

राजेश 70

शिक्षा व्हिजन दिवचल 8 जुनाक मतदार संघातल्या मेंणकुऱ्या आनी साळ गावात शेतकामती तशेच गरजू लोकांखातीर फुकट बी बियाणे आनी खताचे वाटप

करतले.मेणकुर्यां सकाळी 9 वरांचेर तर साळात सकाळी 10:३० वरांचेर जावपी या सुवाळ्याक दिवचल मतदार संघाचे आमदार डॉक्टर चंद्रकांत शेटये हजर आसतले. मतदार संघातल्या सात पंचायती तसेच दिवचल नगरपालिका वाठारांत रावपी शेतकामती तशेच शेती व्यवसाय करपी तसेच गरजू लोकांनी या सुवाळ्याक व्हडा संख्येन हजर रावचे अशे आवाहन शिक्षा विजन दिवचल हाणीं केला

सुभाष 100

गोंय विद्यापीठाच्या जैवतंत्रज्ञान विभाग, संशोधन प्रकल्पाचेर काम करपाक ज्युनियर संशोधन वांगडी पदाचे सुवातीं खातीर पात्र उमेदवारां कडल्यान अर्ज मागयल्यात.प्रकल्पाचो कार्यकाळ तीन वर्सां आसून म्हयन्याक ३७,००० रूपया शिश्यवृत्ती पालव आनी ५९२० रूपया (१६ टक्के घरभाडे भत्तो) दितले. संशोधन वांगडी पदा खातीर गोंय विद्यापीठ आदारीत उमेदवारा कडेन CSIR-UGC NET वा GATE पात्रताये सयत सुक्ष्मजीवशास्त्र/ सागरी सुक्ष्मजीवशास्त्र/ जैवतंत्रज्ञान/ जैवरसायन शास्त्रात एमएससी पदवी पात्रताय म्हूण आसपाक जाय. मुलाखत २४ जून दिसा सकाळी १० वराचेर जातली.

महेश 50

मोदी सरकाराक 11 वरसा जाल्या निमतान गोंय माहिती आनी प्रसिद्धी खात्या वतीन संकल्प से सिद्धि ही कार्यावळ णव जुनाक सकाळच्या साडे धा वरांचेर राजीव गांधी कला मंदिर फोडया आयोजित केल्या. मुखेल सोयरे मुखेल मंत्री दो प्रमोद सावंत आसतले तर मानाचे सोयरे म्हन केंद्रीय ऊर्जा आनी नवीन आनी शाश्वत ऊर्जा राज्य मंत्री श्रीपाद नाईक आसतले.

महेश 45

हालीच INS तारिणी वेल्यान पुराय जग भोवंडी करपी भारतीय नौदळाची दोन बायल लेफ्टनंट कमांडर दिलना के आणि रूपा ए ही पयली भारतीय बायलो थारली. तांच्या ईतिहासिक यशाची यशोगाथा सांगपी आकाशवाणीच्या खबरा विभागाची खासा कार्यावळ तुमका आयकुक मेळतली 105.4 मेगाहरडस एफ एम रेनबोचेर 7 जुनाक रातच्या णव वरा 15 मिनटाचेर.

राजेश 90

मॉलबीवो कंपनीच्या वतीन आंतरराष्ट्रीय पर्यावरण दिसाच्या निमित्तान साखळी नगरपालिकेक धा कोयर वाहतूक करपी इलेक्ट्रॉनिक वाहनां भेटयली .या सुवाळ्यांक मुखेल सोयरे म्हूण मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हजर आशिल्ले. तांचे वांगडा नगराध्यक्ष सिद्धी पोरोब, उपनगराध्यक्ष आनंद काणेकर हजर आशिल्ले. हे वेळार आपल्या उलपात मुख्यमंत्र्यांन सांगले की साखळी पालिका वाटारातलो कोयराचो प्रश्न सुटावो करपाखातीर नगरपालिका तशेच कर्मचारी काम करतात. पूण लोकानीय

सहकार्य करपाची गरज आसा आनि अशे जर केले तर सुंदर साखळी नितळ साखळीचे सोबीत सपन पुराय जावपाक वेळ लागचो ना. या निमतान नगराध्यक्ष सिद्धी प्रभू हाणी धा कोयराची वाहना भेटयल्ले खातिर कंपनीचे उपकार मानले.

सुशांत 120
सांगे हांगा मोठ्या प्रमाणार हाडिल्ल्या अंबरग्रीसची तस्करी उकताडार आयल्या. या प्रकरणात सांगे पुलिसांनी सावंतवाडीचो मुखेल दुबावीत योगेश रेडकर हाचेसयत साकवाळ रावपी रत्नाकांत कारापूरकार आनी फोंडेंचो कार चालक साईनाथ शेट हांकां अटक केल्या. हे तस्करी खातीर वापरिल्ली गाडी सांगे पुलिसांनी जप्त केल्या. आयज सांजवेळा तांकां सांगे न्यायालयामुखार हजर केल्या उपरांत चार दिसांच्या पुलीस कादयेचो रिमांड दिलो.

बोली भाशेत अंबरग्रीस ह्या पदार्थाक देवमाशाची ओकारी म्हणतात. आंतरराष्ट्रीय बाजारपेठेत तिका बरेच व्हड मोल आसा. काल सांजवेळा हे तिगूय दुबावीत दाबामळ-सांगे हांगा एका कारखान्याच्या जाग्यार हो माल विकपाक आयिल्ले. ह्या एकूण मालाचे वजन 5.75 कील आसून आंतरराष्ट्रीय बाजारांत ताचें मोल 10 कोटी 6 लाख रुपया आसा अशी म्हायती सांगेचे पोलीस निरीक्षक दितेंद्र नायक हांणी दिली.

DIP 65
गोंयचे राज्यपाल पी.एस श्रीधरन पिलय आनी मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांणी ईद-उलझुहा बकरी ईद परबीची गोंयच्या लोकांक, खास करून मुसलमान भाव-भयणींक हांव परबीं दिल्या. भारतांत आनी संवसारभर ईद-उलझुहा पारंपारीक उमेदीन आनी खोशेन मनयतात. ताका बळीचो उत्सव अशेंय म्हण्टात आनी इस्लामी उत्सवांतलो एक म्हत्वाचो उत्सव. ह्या शुभ प्रसंगात आमी ह्या राज्याची वाड आनी उदरगत करपाक योगदान दिवन आमच्या समाजाच्या उजवाडाच्या फुडारा खातीर एकठांय येवया अशें मुख्यमंत्र्यान म्हणला.